**हरमल ग्रामपंचायतीचो वार्ड-4 आनी दुर्भाट ग्रामपंचायतीचो वार्ड-2 खातीर पोटवेंचणूक जाहिर**

ता. 14 जुलय 2025

गोंय राज्य वेंचणूक आयोगान पेडणे म्हालातल्या हरमल ग्रामपंचायतीचो वार्ड-4 आनी फोंडा म्हालातल्या दुर्भाट ग्रामपंचायतीचो वार्ड-2 खातीर 2 ऑगस्ट 2025 दिसा पोटवेंचणूक घेवपाचे जाहिर करून 11 जुलय 2025 दिसा सावन ते वेंचणूक प्रक्रिया पुराय जाय मेरेन वेंचणूक जावपी पंचायत प्रभागांत आचारसंहिता लागू केल्ली आसा.

उमेदवारी अर्ज 15 ते 22 जुलय मेरेन स्विकारतले. 23 जुलय दिसा उमेदवारी अर्जांची छाननी जातली. उमेदवारी अर्ज फाटी घेवपाची तारीख 24 जुलय आसा. 2 ऑगस्ट दिसा सकाळी 8.00 ते सांजेची 5.00 वरा मेरेन मतदान जातले आनी 4 ऑगस्ट दिसा मतमेजणी जातली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/603

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.